Panaji

National News

09 September 2026 6:30 pm

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज चार मार्गा खातीर उच्च घनतेच्या सात रेल्वे जाळयांक मान्यताय दिली. हातूंत दिल्ली ते मुंबय, मुंबय ते चेन्नय, चेन्नय ते कोलकाता आनी कोलकाता ते दिल्ली ह्या प्रकल्पांचो आस्पाव जाता. नवी दिल्लींत जाल्ले मंत्रीमंडळाचे बसके उपरांत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना.
मंत्रीमंडळान वट्ट धा हजार सातशें कोटी रुपया परस चड खर्चाच्या तीन मल्टीट्रॅकिंग रेल्वे प्रकल्पांक मान्यताय दिली. लायनीची क्षमता वाडिल्ल्यान गतीशीलताय लक्षणीय प्रमाणांत वाडटली, ताका लागून भारतीय रेल्वेची कार्यात्मक क्षमताय आनी सेवा विश्वासार्हताय वाडटली अशे ताणी फुडे म्हणला.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी  आयज परमवीर चक्र पुरस्कार विजेते  कॅप्टन विक्रम बत्रा हांका ताच्या जयंती निमतान आरगां ओपली. 24 व्या वर्सा देशा खातीर आपलें जिवीत अर्पण करपी कॅप्टन बत्रा, हेर सगळया गजालीं वयर राष्ट्राचें कल्याण दवरपाक सगळयांक प्रेरीत करत रावतले अशें अमित शाह हाणी सोशल मीडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींची भौशीक जिवितांत 25 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ताच्या वाडदिसा वेळार ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखे सावन भाजपा सरकार म्हयन्याभराच्या सेवा संकल्प अभियानाची सुरवात करतलें.
प्रधानमंत्री मोदीच्या फुडारपणाखाला भारताची प्रगती फकत उदरगतीपुरती मर्यादीत उरूंक ना, तर भारताची संस्कृतीक वळख आनी दायज लेगीत घटमूट जालां हाचेर भाजपा अध्यक्ष नितीन नबीन हाणी भर दिलो.

वाराणसीच्या आंतरराश्ट्रीय रुद्राक्ष अधिवेशन केंद्रांत आयज 9व्या राष्ट्रीय पोशण म्हयन्याचें उक्तावण जालें. ह्यावेळार उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांचे वांगडा केंद्रीय महिला आनी बालविकास मंत्री अन्नपूर्णा देवी, बायल आनी बालविकास राज्यमंत्री सावित्री ठाकूर, आनी हेर मंत्र्यांच्या हाजिरेत कार्यावळीचें उक्तावण जाले. ह्या वेळार उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथा हाणी सांगलें की

ही मोहीम दरेका आवयचें भलायकी, दरेका भुरग्याचें पोशण आनी दरेका कुटुंबाची समृद्धी हांचे कडेन जोडिल्ली आसा. शुद्ध आनी संतुलीत पोशण हो भलायकी आनी समृध्द राष्ट्राची घट बुन्याद आसा अशें ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय मंत्री अन्नपूर्णा देवी हाणी म्हणला.

सौदी सार्वभौम प्रदेशाचेर, खास करून नागरी आनी अर्थीक सुविधांक लक्ष्य करून केल्ल्या हुथी हल्ल्यांचो भारतान निशेध केला. सौदी अरेबियांत जाल्ल्या हल्ल्यां विशीं प्रसार माध्यमांनी विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना विदेश मंत्रालयांचे म्हणयारे रणधीर जैस्वाल हाणी प्रादेशीक सुरक्षा आनी स्थिरताय कमी करपी आनी नौकानयनाच्या स्वातंत्र्याचेर बाधा हाडपी असले हल्ले मान्य नात अशे म्हणला.

यु. एस.ए च्या उकत्या टेनिस सरतींत अमेरिकेच्या बेन शेल्टनान आदलो चॅम्पियन कार्लोस अल्काराझाक हारोवन दादल्यांच्या एकेरी उपांत्य सर्तींत प्रवेश केला.

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन बिहार, झारखंड, ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी ईशान्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांनी उत्तराखंड, आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, पुद्दुचेरी, कराईकल, अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर वादळ मारुन जोगला सयत पावस पडटलो असो हवामान खात्याचो अदमास आसा. आंध्र प्रदेश केरलम् आनी माहेच्या दर्यादिगेवेल्या वाठारांनी दिसाक उश्ण आनी दमट हवामान आसतले असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.